**राष्ट्रीय विज्ञान दीस कार्यक्रम आयोजनाखातीर अर्थीक मदत दिवपाक प्रस्ताव मागयल्या**

ता. 2 जुलय 2024

गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळान 28 फेब्रुवारी 2025 दिसा "राष्ट्रीय विज्ञान दीस- 2025" मनोवपा खातीर विज्ञान आनी तंत्रज्ञान शिक्षण संस्थां आनी विज्ञान आदारीत संघटनांकडल्यान अनुदान मदती खातीर प्रस्तांव मागयल्यात. विज्ञान दिसा निमतान शाळां, महाविद्यालयां आनी सर्वसामान्य लोकांच्या सहभागान चर्चा, प्रस्नमंजुशा, प्रदर्शनां, व्याख्यानां, रेडिओ संवाद ह्या सारखे वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजीत करतात.

आमचे म्हान शास्त्रज्ञ आनी नोबेल पुरस्कार जैतवंत सर सी. व्ही. रमण हांणी लायिल्ल्या रमण इफेक्ट सोदाच्या उगडासाक देशांत प्रत्येक वर्सा 28 फेब्रुवारीक "राष्ट्रीय विज्ञान दीस" मनोवपात येता. गोंय राज्यांत गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळावतीन केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालयाच्या वेगवेगळ्या विज्ञान आनी तंत्रज्ञान कार्यक्रमांची अंमलबजावणी करपात येता.

त्याच प्रमाण राज्यांत 22 डिसेंबराक राष्ट्रीय गणीत दीस पाळपात येतलो. 22 डिसेंबर 2024 दिसा राष्ट्रीय गणीत दिसानिमतान गणीत संबंदीत प्रस्नमंजुशा, व्याख्यानां आनी सर्तींचे आयोजन करपा खातीरय इत्सुक शाळां आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आदारीत संघटनांकडल्यान प्रस्तांव मागयल्यात. वांगडी सचिव, गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळ, साळगांव, सेमिनारी सामकार, साळगांव-बार्देस 403511 हांगा प्रस्तांव सुपुर्द करपाची निमाणी ता. 12 जुलय 2024 आसा.

चड म्हायती खातीर इत्सुक शाळां, उच्च माध्यमिक शाला, महाविद्यालयां आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आदारीत बिगर सरकारी संघटनांनी कार्यक्रमाचे प्रकल्प सोदअधिकारी श्री. संजीव आर. चोडणकर, मो. नं. 9284794220 वा संयोजक श्री. फ्रान्सिस्को लुकास, मो. नं. 9850142036 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/272

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.